## मडगांवच्या जिल्हो हॉस्पिटलांत आनी  ईएसआय हॉस्पिटलांत मुख्यमंत्र्यांहस्तुकीं ऑक्सिजन प्लांटाचे उक्तावण

ता.  7 ऑक्टोबर 2021

मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी आयज दक्षीण गोंयांतल्या मडगांवच्या जिल्हो हॉस्पिटल प्रकल्पांत  प्रधानमंत्री केअर फंडातल्यान उबारिल्ल्या  पीएसए ऑक्सिजन प्लांटाचे उक्तावण केले. आयज उत्तराखंडातल्या ऋषिकेश हांगा आयोजीत कार्यक्रमात प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदीं हांणी व्हर्च्युअल पद्दतीन सगळयां राज्यांक  पीएसए ऑक्सिजन प्लांट्स समर्पित केले.

गोंय राज्याखातीर पीएसए ऑक्सिजन प्लांट दिल्ले खातीर  मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे उपकार मानलें. वैजकीय आणीबाणीच्या काळात ऑक्सिजन पुरवठ्याची कमतरता पयस  करपाखातीर ह्या ऑक्सिजन प्रकल्पाची मजत जातली. अदीक ऑक्सिजन साठोवन दवरपा खातीर राज्यांत जाय तशी सुविधा आशिल्ल्याचें, मुख्यमंत्र्यान सांगले.

मुख्यमंत्र्यांन कोरोना म्हामारीच्या  काळात मडगांवच्या जिल्हो हॉस्पिटलातले  वैजकीय कर्मचारी आनी भलायकी विभागाच्या अधिकाऱ्यांनी केल्ल्या अथक प्रयत्नांची आनी समर्पित सेवेची तोखणाय केली.

प्रधानमंत्री श्रीं. नरेंद्र मोदी हांणी गुजरातचे मुख्यमंत्री आनी देशाचे प्रधानमंत्री  म्हूण देश सेवेची 20 वर्सां पूर्ण केल्लेखातीर मुख्यमंत्र्यांन तांचे अभिनंदन केले.

मुख्यमंत्र्यासयत भलायकी मंत्री श्री. विश्वजित राणे हांणी व्हर्च्युअल पद्दतीन उत्तराखंडातल्या ऋषिकेश हांगा राज्यांक  पीएसए ऑक्सिजन प्लांट्स समर्पित करपा खातीर आयोजीत कार्यक्रमाक हाजिरी लायली.

साथीच्या दुयेंसांआड  प्रभावीपणान उपाय करपा खातीर  राज्य सरकार आवश्यक सुविधा उपलब्ध करपा खातीर सगळें तरेचे प्रयत्न करता, अशें भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे हांणी सांगलें.

भलायकी संचालक डॉ. आयरा आल्मेदा हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

ताचे पयली  मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी कामगांर  आनी रोजगार मंत्री श्रीमती जेनिफर मोन्सेरात हांच्या उपस्थितीत मडगांव हांगाच्या  ईएसआय हॉस्पिटल प्रकल्पात पीएसए ऑक्सिजन प्लांटाचे उक्तावण केले.

मुख्यमंत्री डॉ.सावंत हांणी म्हामारीच्या काळात ईएसआय हॉस्पिटलाच्या कर्मचाऱ्यांनी केल्ल्या प्रयत्नांचीय तोखणाय केली आनी ह्या ऑक्सिजन प्लांटाक लागून ईएसआय हॉस्पिटलाक जाय तसो ऑक्सिजन पुरवठो जातलो, अशें सांगलें.

मंत्री श्रीमती. जेनिफर मोन्सेरात हांणी ईएसआय हॉस्पिटलाक पीएसए ऑक्सिजन प्लांट उपलब्ध जाल्लेखातीर समाधान उक्तायलें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/834

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji